**6 Oct 2026** **6.30pm**

**80 प्रधानमंत्री**

उदकाची सुरक्षा म्हणल्यार फकत मुळावी बांदावळ बांदप न्हय तर बरे नियोजन, घटमूट थळावी वेवस्था आनी उदक वेवस्थापनांत भोवसाक वांटेकार करून घेवप अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां. गुजराताच्या उदका शासन मॉडेलाचेर राष्ट्रीय दिसाळ्यांत उजवाडाक आयिल्या लेखाचेर ते उलयले.गुजरातांतल्या उदका सुदारणां सावन व्हड प्रमाणांतल्या राष्ट्रीय कार्यावळीं मेरेन भारताचो प्रवास, उदकाचें वेवस्थापन सुदारपाक आनी वाडत वचपी उदकाची गरज भागोवपाक सोदपी देशांक, वेव्हारीक देख दिता अशें श्री मोदी हांणी सांगलें. भारतांतल्यान आयिल्लें उदक-शासनाचें मॉडेल व्यापक जगा खातीर उपेगी धडे दिता अशें तांणी म्हटला.

**संरक्षण मंत्री 90**

संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंह हाणी म्हटला की, भारताक आपली सागरी शक्त आनिक वाढवपाखातीर आणि देशाची संरक्षण ताक घटमूठ कर्पखातीर एका मजबूत आणि एकात्मिक सागरी परिसंस्थेची गरज आसा .संरक्षण मंत्र्यांनी आयज विशाखापट्टणम हांगा हिंदुस्तान शिपयार्ड लिमिटेड फ्लीट सपोर्ट शिप-१ चे जलावतरण, फ्लीट सपोर्ट शिप-५ च्या बांधकामाची पायाभरणी आणि अद्ययावत स्लिपवे-४ आनी ३०० टन क्षमतेच्या गोलियाथ क्रेनचे उक्ताव्ण केले.

**80 अश्विनी वैष्णव**

केंद्रीय मंत्रीमंडळान एकत्रीत येरादारी आनी लॉजिस्टिक्स प्राधिकरणाची थापणूक करपाक मान्यताय दिल्या. केंद्रीय मंत्रीमंडळ बसके उपरांत आयज नवी दिल्लींत प्रसार माध्यमांक म्हायती दितना, म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी हि म्हायती दिली . हाका लागून येरादारी आनी वाठारान संशोधन, नियोजन, मूल्यमापन, निरिक्षण आनी परिणामांचें मुल्यांकन घटमूट जातलें. देशांतल्या एकत्रीत येरादारी आनी लॉजिस्टिक्स नियोजना खातीर सर्वोच्च संस्था म्हणून काम करतली अशें तांणी सांगलें. देशाचें जीडीपी सुमार 7 ते 8 टक्क्यांच्या दरान वाडत आशिल्ल्यान लॉजिस्टिक्सची मागणीय सतत वाडत आसा अशें वैष्णव हांणी सांगलें.

**50 ईसंजीवानी**

भारताची राष्ट्रीय दूरचिकित्सा सेवा ईसंजीवानी 50 कोटी टेलीफोन सल्लो दिवपाचो पावडो हुपला .देशभरांतल्या नागरिकांक दर्जेदार भलायकी सेवा चड सुलभ, परवडपी आनी समता करपा खातीर डिजिटल तंत्रगिन्यानाचो फायदो घेवपाच्या सरकाराच्या यत्नांत एक म्हत्वाचो मार्गदर्शक फातर थारला. ह्या प्लॅटफॉर्मान सगळ्या राज्यांनी आनी संघराज्यांत एकठांय 50 कोटी परस चड कॉल नोंद केल्यात. अश्ये भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्रालयान सांगला.

**60 कापड मंत्रालय**

कापड मंत्रालयान आयज नवी दिल्लींत कापड उद्देगा खातीर उदरगत मंडळाची पयली बसका घेतली आनी उत्पादन, नवनिर्माण आनी जागतीक बाजारांत प्रवेश हांचे कडेन समन्वयात्मक पुराय मूल्यसाखळेचो समन्वयित दृष्टिकोन दवरपाचो उलो ह्या बस्केन मारला . मंत्रालयाचे सचीव नीलम शमी राव हांच्या अध्यक्षतेखाला जाल्ले हे बसकेंत कापड आनी कपडे क्षेत्र हे देशाक सगळ्यांत चड रोजगार दिवपी आनी निर्यात करपी क्षेत्र आसा अशें म्हटला.

**60 खेळ**

आशियाई खेळां सर्तींत भांगरा पदक जिखपी भारतीय हॉकी पंगडाचे खेलगडे आयज सकाळीं अमृतसर विमानतळार पावले. तांका नागरीक, खेळां मोगी, पंजाब हॉकी असोसिएशनाचे अधिकारी तशेंच पालकांनी ड्रम बीट, आनी फुलातुरे

भेटोवन येवकार दिलो. दोन गॉल करपी कॅप्टन हरमनप्रीत हांणी भांगरा पदक जिखपाचो अभिमान आनी खोस उक्तायली. खंयचोय मान जिखप आनी मागीर तिगोवन दवरप हो पुराय पंगडाच्या सामुहीक यत्न आनी समर्पणाचे परिणाम अशें तांणी सांगलें

**हवामान 80**

भारतीय हवामान खात्यान केरळ माहे, दक्षिण आंतराश्ट्रीय कर्नाटक, तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी कराईकल ह्या वाठारांनी आयज व्हड प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास काडला. तशेंच आय एम डीन जम्मू-काश्मीर, लद्दाख, दिल्ली, पंजाब, हरियाणा, चंडीगढ, उत्तर प्रदेश, उत्तराखंड, हिमाचल प्रदेश, बिहार, झारखंड, ओडिशा आनी अस्तंत बंगालाचेर जोगला आनी वादळी वारें ,वांगडा गडगड येवपाचो अदमास काडला. सिक्किम, छत्तीसगड, उदेंत मध्य प्रदेश, मध्य महाराष्ट्र, कोंकण, गोंय, लक्षद्वीप, आंध्र प्रदेश, अंडमान आनी निकोबार जुंवे आनी ईशान्य राज्यां खातीर अशीच परिस्थिती आसपाचो अदमास आसा.